**साहित्स नियाळ**

## कोंकणी संस्कृतायेचो एक आवेसर

मनोहर पै धुंगट

मार्च 1894त ल्युमियॅर भावांनी प्रक्षेपक ( Cine Projector) तयार करून पयलो चलतचित्रपट दाखयलो आनी सिनेमा युगाक सुरवात जाली. भारतांत चलतचित्रपटाचो उदेव 1896त जालो. तरिकुय सिनेमा युगाची खरी सुरवात भारतांत 1912 वर्सा जाली अशें मानतात. त्या वर्साच्या ऑगस्टांत दादासाहेब फाळके हांणी 'रोपट्याची वाढ' हो पयलो चित्रपट काडलो. उपरांत तांणी 'राजा हरिश्चंद्र' हो मराठी भाशेंतलो पयलो सुमार 1128 मि. लाबांयेचो चित्रपट पुराय काडलो. होच पयलो भारतीय चित्रपट लेखतात. दादायाहेब फाळके हांकां भारतीय सुश्टीचो जनक मानतात. सुरवेचे चित्रपट 'मूकपट' आसताले. बोलपट येवपाक 1932 साल उजवाडचे पडले. त्या वर्सा 'आयोध्येचा राजा' हो पयलो मराठी बोलपट मुंबयत प्रदर्शीत जालो. ते उपरांत सिनेमा म्हणटात ती कला आनी शास्त्र लोकांक आवडपाक लागलें. भारतांतल्या वेगवेगळया भासांनी चित्रपट तयार जावंक लागले. अवधी, मागधी, छत्तीसगढी, मनिपुरी, तुळू असल्या भासांनीं चित्रपट तयार जाले आनी लोकांक मनरिजवणेंचें बरे साधन मेळ्ळें. सुरवातेक वेगान सरकुपी प्रकाश चित्राच्या पड्ड्यार घडपी दर्शना खातीर सगळया भासानी सिनेमा हो शब्द घोळटालो. उपरांत बोलपट, चित्रपट,चलतचित्र अशे, अर्थाची फोड करपी, शब्ध घोळणुकेंत आयले.

चित्रपट सृश्ट म्हळयार एक व्हडली खण. भौ. इजिदोर दान्तश हाणीं उणीपुरी धा वर्सां खर वावर करुन हे खणीतलीं कांय रत्नां आमचे मुखार दवरल्यांत. कोंकणी चलचित्रां हे उपाट म्हायतीन भरिल्लें सोबीत पुस्तक वाचप्यांक दिलां.

सिनेमा कलेच्या मळार साबार कोंकणी भाशीक लोक वावुरताले. पयली पयली जीं फिल्मां आयलीं तीं मोनी आसतालीं. तीं थेटरांत दाखयताना सांगात दिवंक संगीताची गरज लागताली. बरेच गोंयकार देशी आनी विदेशी संगीतांत प्रविण आसले. तांकां फिल्माच्या प्रयोगा वेळार म्युजिक वाजवपाची संद मेळ्ळी आनी फिल्म उद्द्देगा कडेन तांचो लागींचो संबध आयलो. फिल्म उद्‌देगाच्या हेर फांट्यानीय जायत्या कोंकणी भाशिकांनी गिन्यान जडलें आनी मोलाचें काम केलें. इजिदोरबाबानीं अश्या लोकांची वळेरीच आपण्याल्या पुस्तकांत दिल्या. इतलें आसुनूय पयलो कोंकणी चित्रपट येवंक 1950 मेरेन वाट पळोवची पडली. त्या वर्सा ' मोगाचो आंवडो' हो पयलो कोंकणी चित्रपट आयलो. ताचे उपरांत गोंयकार आनी मुंगळूरकार भावानी ह्या मळार जायतो वावर केला. आज मेरेन एकत्तीस कोंकणी चित्रपट तयार जाल्ले आसात.

ह्या चित्रपटांचो इतिहास सांगून कोंकणी मनशाचें चित्रपटाच्या मळार योगदान हो विशय लोकां मुखार मांडपाची गरज आशिल्ली. हे काम एकटयाचें न्हय तरी इजिदोरबाबांनी तें समर्थपणान पेल्लां. इजिदोर दान्तश, हे एक फांकिवंत बरोवपी आनी अभ्यासू पत्रकार .तांच्या बरपाक कोंकणीच्या मोगाची झलर आसा. ह्या पुस्तका खातीर म्हायती आनी फोटो मेळोवपाक तांणी साबार कश्ट घेतल्यात. पदरचे दुडू मोडल्यात. पुस्तकाक देखणी रुप दिवपाक ते दीस रात वावुरल्यात.

चित्रपट मोळार वावुरप्यांचो फावो तो पालव मेळ्ळो ना तरी ते निर्शेलेनांत. खर यत्नांतल्यान ताणी एक मोलादीक पुस्तक कोंकणी सरस्पतीक ओपलां. पुस्तक हातांत घेना फुडें चाळून पळोंवशें दिसता. तातुंत दिल्ल्या छायाचित्रां वरवीं कोंकणी चलचित्रांच्या मोळार जाल्ले प्रगतीची वाट मेळटा. लोकप्रिय जाल्ल्या फिल्मी गितांची अचूक शब्दांकन आनी तांचें नोटेशन ही ह्या पुस्तकाची विशेशताय म्हणपाक जाय. बऱ्याच कोंकणी व्यक्तिनी भारतीय चलचित्र उदद़ेगाक मोलाचें योगदान दिलां. अश्यावयक्तिंची म्हायती पुंजावन इजिदोरबाबान आपल्या पुस्तकांत मेजक्या शब्दानी दिल्या. ती म्हायती आनी फोटो मेळोवपाक ताणी खूब तकालस घेतल्या.

आमकां इतिहासा विशीं, ताच्या साधनांची जताय करपा विशीं मात पासून पडून वचूंक ना. हें परत एकदो उकते जालां. बऱ्याचश्या निर्मुप्यांकडेन आपणे निर्मीत केल्ल्या फिल्माची प्रत वो फोटो लेगून नात. आपल्या वावराची म्हायती दिवपाकूय कांय जण तयार जायनात. फिल्मां कडेन संबंध आशिल्ल्या लोकांकूच ह्या वावराचें म्हत्व फावो त्या प्रमाणात ना. इजिदोरबाबाच्या पद्रांत निर्शेवणीच पडली. आज होलमता तो इतिहास राखून दवरलोनो जाल्यार मुखार कांयच हाताक लागचे ना. देखून इजिदोरबाबान नेटान काम तडीक व्हेलें. हें पुस्तक रोमी लिपयेंत आसा. तांची भास सोंपी आनी सरळ. वाचप्यांचे सोयी खातीर उतरावळीचें एक पान तांणी मुजरत दिलां. तांतल्यान ताचो भाशेचो अभ्यास कळून येता. हाचे पयलीं ताणी ‘वज्रां’ हें कोकणी म्हणीचें संकलन रोमी लिपयेंत इंग्लीश अर्थावणे सयत उजवाडायलां. थंयच ताचें आनी म्हजें गोत्र जुळ्ळें. आमी दोगूय अर्थशास्त्राचे विद्यार्थी. वितीय संस्थनी काम करपी. पूण दोगूय कोंकणी म्हणीच्या मोगांत पडिल्ले. म्हजें कोंकणी म्हणीसागर हें संकलन आयलें. काळ विपूल आसा. केन्ना तरी लोक ताचो लाव घेतले. दुसरें म्हळयार, मुंबयच्या ‘ गोवा हिंदू ॲसोसिएशन’ हे नामनेचे संस्थेचें संदर्भ ग्रंथसंग्रहालय हांव सांबाळतां. आनी इजिदोरबाब त्या ग्रंथसंग्रहालयाचो लाव घेवपी भोव थोड्या ग्रंथमोग्यां मदलो एक. रोखडेच कोंकणी चलचित्रां हें पुस्तक देवनागरींत येवपाचें आसा. रोमींतल्या ह्या पुस्तकाचें विमोचन अमेरिकेंतल्या ’ गोवा सुदारप ‘ हे संस्थेच्या धाव्या वाडदिसा निमतान कॅलिफोनियांत एप्रिलाचे चार तारकेक जालें.

कोंकणी चलचित्रां
मोलः 650 रूपया.
उजवाडावपीःदान्तश पब्लिकेशन्स
4, प्रिया सोसायटी,
5/2/3,ताडीवाला रोड, पुणे 411001
माबायलः 9892504447
www.konkanifilmbook.com